मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं

ता. 7 नोव्हेंबर 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा "दिवाळी सणाच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या सगळ्यां लोकांक उर्बेभरीत परबीं दिता. दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव, आमच्या संस्कृतीचो एक उमेदीचो सण, जो उजवाडान काळखाचेर आनी सद्‌गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक जावन आसा. रावणाचो वध करून श्रीराम ह्या दिसा अयोध्येत परतलो. जनतेन दिव्यांची रोशणाय करून श्रीरामाक येवकार दिलो. दिवाळीचो उत्सव न्हय फकत आमच्या घरांनी उजवाड करता, जाल्यार सकारात्मक उर्जेवरवीं आमची मनां-काळजां प्रकाशीत जातात.

दिवाळीचो उत्सव समाजात शांतीकाय, भावपण आनी जातीय सलोखो वाडोवपाक लोकांक उर्बा दिता. हो सण सगळ्यांक काळखातल्यान उजवाडाकडेन वाटचाल करपाची वाट दाखयता. दिव्यांचो उजवाड लोकांच्या जीणेतलो काळोख पयस करता.

दिवाळीचो उत्सव सुरक्षीत आनी प्रदुशणमुक्त तरेन मनोवन आमच्या गोंयची सोबीतकाय सांबाळून दवरूया. दिवाळीचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत नवी उमेद आनी समृद्दी घेवन येव, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/723

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.